# CS(M) EXAM2012

G-DTN-M-LPLA

# KONKANI

## Paper I

## (Literature)

*Time Allowed : Three Hours* | *Maximum Marks : 300*

---

*INSTRUCTIONS*

***Candidates should attempt questions no. 1 and 5 which are compulsory, and any THREE of the remaining questions, selecting at least ONE question from each Section.***

***All questions carry equal marks.***

***Answers must be written in Konkani.***

***IMPORTANT : Whenever a question is being attempted, all its parts/sub-parts must be attempted contiguously. This means that before moving on to the next question to be attempted, candidates must finish attempting all parts/sub-parts of the previous question attempted. This is to be strictly followed.***

***Pages left blank in the answer-book are to be clearly struck out in ink. Any answers that follow pages left blank may not be given credit.***

## SECTION A

1. मुखार दिल्ल्या विशयांचेर अभ्यासपुराय टिपो बरयात. दर एके टिपेचो आटाप 150 उतरांमेरेन मर्यादित आसचो. *12×5=60*

   (क) कर्नाटकांतले कोंकणी कवितेची खाशेलपणां.

   (ख) कोंकणीतल्या लोकवेदाचेर सैमाचो पडिल्लो प्रभाव.

   (ग) कोंकणी भास ही मराठीपासून वेगळी हें स्पश्ट करपी वेंचीक निकश.

   (घ) कोंकणींतलीं सामाजिक जाणविकायेचीं तियात्रां.

   (ङ) पोर्तुगेज गोयांत येतकीर ख्रिस्ती धर्मगुरुंनी रचिल्लें धर्मीक साहित्य.

2. (अ) कोंकणी भाशेंत मराठी, कन्नड आनी पुर्तुगेज उतरां मेळटात, तांच्यो देखी दियात आनी हीं उतरां कोंकणी भाशेन कशीं आपणायल्यांत तें आदारासयत स्पश्ट करात. *30*

   (ब) कोंकणीत शब्दकोश निर्माण करपाखातीर जाल्ल्या वावराचेर तुमचें मत दियात. तुमची जाप देखींसयत बरयात. *30*

3. (अ) पेडणें आनी उत्तर गोंयांतल्या हेर वाठारांत कोंकणीची जी मोड आमकां दिसता, तिचीं खाशेलेपणां सांगात. *30*

   (ब) रोमन ळिपयेंत बरयिल्ल्या 'रामायण' आनी 'महाभारत' ह्या कोंकणीतल्या आद्य साहित्याचेर तुमचें मत मांडात. *30*

4. (अ) कोंकणी भास विविध लिपयांनी बरयतात, देखून कोंकणी साहित्याचेर ताचो प्रतिकूल परिणाम जाला, हें मत तुमकां मान्य आसा ? तुमची जाप विस्तारान बरयात. *30*

   (ब) कोंकणी व्याकरणाच्या मुखेल आंगांचेर तुमचे विचार मांडात. *30*

## SECTION B

**5.** मुखार दिल्ल्या विशयांचेर अभ्यासपुराय टिपो बरयात. दर एके टिपेचो आटाप 150 उतरांमेरेन मर्यादित आसचो. *12×5=60*

(क) शणै गोंयबाब हांचीं कोंकणींतली चरित्रात्मक बरपावळ.

(ख) कोंकणीतली आस्वादक समिक्षा आनी तिच्यो मर्यादा.

(ग) कोंकणी कादंबरेचेर पडिल्लो समाजीक प्रस्नांचो प्रभाव.

(घ) तियात्रांनी घडयिल्लें गोंयचे जिणें तल्याबदलांचें दर्शन.

(ङ) कोंकणी भाशेचें प्रमाणिकरण घडोवन हाडपामुखावयलीं आडमेळीं.

**6.** (अ) अर्विल्ल्या कोंकणी नाट्य-साहित्यांत गोंयचे जिणेचें वास्तव दर्शन घडलां, अशें तुमकां दिसता ? तुमचे जापेचीं कारणां दियात. *30*

(ब) कोंकणीतल्या अणकारीत साहित्यान कोंकणी साहित्याक कितें योगदान दिलां ? देखी दिवन तुमची जाप बरयात. *30*

**7.** (अ) गोंयचे मुक्तीउप्रांत निर्माण जाल्ल्या कोंकणींतल्या कथनात्मक साहित्याच्या उदरगतीचेर विवेचनात्मक पद्दतीन आदारासयत उजवाड घालात. *30*

(ब) कोंकणी कादंबरी तातूंतल्या व्यक्तिचित्रणांक लागून कलात्मक जाल्ल्याचें जाणवता, हें मत तुमकां मान्य आसा ? विस्तारान देखींसयत बरयात. *30*

8. (अ) भोंवडेवर्णनां हो निबंदप्रकार कोंकणींत कोणे केळयलो ? तांच्या मुखेल रचनांच्यो विशेशतायो सांगात. *30*

(ब) शंकर रामाणी आनी पांडुरंग भांगी हांच्या कवितांची खाशेलपणां, आदारासयत, सुपुल्लया भितर नियाळात. *30*